AKASHVANI PANAJI NATIONAL NEWS 8.40 AM 17TH JAN 2025

Pm 105

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन अस्तंत बंगाल आनी आसामांत दोन दिसांच्या भोंवडेर आसतले . प्रधानमंत्री पयलीं अस्तंत बंगालाक वतले आनी थंय आयज दनपारां माल्डा जिल्हयांतल्या मालदा टाउन रेल्वे स्टेशनाचेर हावड़ा आनी गुवाहाटी (कामाख्या) हांचे मदीं भारताची पयली वंदे भारत स्लीपर ट्रेन पांचवो बावतो दाखयतले . हावडा-गुवाहाटी मार्गाचेर सुमार 2.5 वरां प्रवास वेळ उणो करून ही गाडी धर्मीक प्रवास आनी पर्यटनाक चालना दिता . आयज अस्तंत बंगालांतल्या मालदा जिल्हयांत 3,250 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या रेल्वे आनी रस्त्याच्या मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्पांची बुन्याद घालून ते राष्ट्राक समर्पित करतले . उपरांत सांजवेळार प्रधानमंत्री आसामांत वचून गुवाहाटींतल्या बोडो समाजाच्या गिरेस्त दायजाची परब मनोवपी इतिहासीक सांस्कृतीक कार्यावळींत वांटो घेतले. प्रधानमंत्री 6हजार 950 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या काजीरंगा एलिव्हेटेड कॉरिडोर प्रकल्पाचो बुन्यादि फातर बसयतले. गुवाहाटी (कामाख्या)-रोहतक आनी डिब्रुगड-लखनौ (गोमती नगर) हांचे मदीं दोन नव्या अमृत भारत एक्सप्रेस गाडयांक ते पाचवो बावतो दाखय्तले . ह्या नव्या रेल्वे सेवांक लागून ईशान्य आनी उत्तर भारता मदीं संपर्क घटमूट जातलो आनी लोकांक सुरक्षीत आनी सोयीस्कर प्रवास करपाक मेळटलो.

ATMANIRBHAR

आत्मनिर्भर भारत उबारपाक स्टार्टअपांची म्हत्वाची भुमिका आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. नवी दिल्लीच्या भारत मंडपांत राष्ट्रीय स्टार्टअप दिसा निमतान आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत ते उलयताले.**Bytes** मजगती फाटल्या दशकांत भारताच्या स्टार्टअप पर्यावरण यंत्रणन इतिहासीक पावन्डो हुपला जो नवनिर्माण, लवचीकपण आनी संवसारीक मान्यतायेच्या प्रवासाचे प्रतिबिंब आसा अशे आयज धाव्या राष्ट्रीय स्टार्टअप दिसा निमतान केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी म्हणला.

JAISHANKAR

फाटल्या दोन दशकांत भारत आनी जपान सबंद अर्थीक मळा भायर वचून एक व्यापक आनी रणनिती भागीदारींत रूपांतरित जाल्यात अशें  विदेश मंत्री डॉ.s जयशंकर हाणी म्हणाला . नवी दिल्लींत जपानचे विदेश मंत्री तोशिमित्सु मोटेगी वांगडा तांणी उलोवपा केलें. Bytes  jayshankar

BUDGET

संसदेच्या आगामी अर्थसंकल्पीय अधिवेशनांत सरकार 'बीज कायदो 2026' सुरू करतलें अशी म्हायती कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी दिली **bytes sivraj singh** ह्या कायद्याचो हेत बनावट आनी अनधिकृत बियाणांची विक्री आडावप आनी शेतकारांक उच्च दर्जाचे प्रमाणीत बियो मेळप सुनिश्चीत करप, हो आसा.

POLAND 40

पोलंडाचे उपप्रधानमंत्री आनी विदेश वेव्हार  मंत्री रादोस्लाव सिकोर्स्की आयज सावन तीन दिसांची भारताचा  भेटीत आसताले . आयतारा राजस्थानांतल्या जयपुरांत जावपी जयपुर साहित्य महोत्सवांत सिकोर्स्की हाजीर रावपाचो आसा. जाल्यार भोंवडेच्या निमाण्या दिसा तांची नवी दिल्लींत विदेश वेव्हार  मंत्री जयशंकराची भेट जातली.

MAHA 42

महाराष्ट्रांत भाजपा आनी एकनाथ शिंदे हांच्या फुडारपणा खाला शिवसेनेच्या युतीन बृहंमुंबय नगरपालिकेच्या वेंचणुकेंत 227 जाग्यां मदली 118 जागा मेळोवन स्पश्ट भोवमत मेळयलां. भाजपाक एकूण नव्वद  जागे, जाल्यार शिंदे फुडारपणा खाला सेनाक 29 जागे मेळ्ळे.शिवसेना (यूबीटी)-एमएनएस-एनसीपी (एसपी) युतीन ब्यात्तर  जागा जिखपाक येस मेळयलें.

FARMERS 30

केंद्र सरकारान शेतकारांची शेतकी गरजो वेळार पुराय करपा खातीर 2024-25 वर्साच्या काळांत सार्‍यांची विक्रमी उपलब्धताय सुनिश्चीत केल्या. मंत्रालयान उरिल्ली उपलब्धताय शेतकारांक आदार दिवपाची सरकाराची खर वचनबद्धताय दाखयता अशे सांगले .

DELHI  38

दिल्लींत हवेचो दर्जो इबाडत आशिल्ल्यान हवेचो दर्जो वेवस्थापन आयोगान पुराय राष्ट्रीय राजधानी प्रदेशांतल्या ग्रेडेड रिस्पॉन्स ॲक्शन प्लॅनाचो (जीआरएपी) तिसरो पांवडो रोखडोच प्रभावीपणान लागू केलो. शारांतल्या हवेचो दर्जो निर्देशांक काल सांजवेळा तीनशे चौपन्न  नोंद जाले उपरांत हो निर्णय घेतला.

Germany 100

भारत आनी जर्मनीन दूरसंचार सहकार्याविशीं संयुक्त हेत घोशणापत्राचेर स्वाक्षरी केल्या. नेमान म्हायती आनी उत्तम पद्दतींचो आदान-प्रदान, आनी फुडाराच्या तंत्रगिन्यानांत सहकार्याक चालना दिवन सहकार्य वाडोवपाक दोनूय वटांनी मान्यताय दिल्या अशी म्हायती संचारण मंत्रालयान दिल्या. संघराज्य जर्मनीचो संघराज्य कुलगुरू फ्रेडरिक मेर्झ हांच्या ह्या म्हयन्याच्या 12 ते

13 ह्या दिसा भारताक केल्ले अधिकृत भेटी वेळार हे घोशणापत्राचेर स्वाक्षरी केल्या. हो सहकार समावेशी आनी शाश्वत डिजिटल रुपांतराच्या उद्देशाक आदार दितलो अशें मंत्रालयान सांगलें. भारत-जर्मनी संबंदांतल्या गतीचेर आनी उच्च पांवड्यावेल्या शाश्वत संबंदांचेर उबारून दूरसंचार आनी म्हायती आनी संचारण तंत्रज्ञान, आयसीटी ह्या मळार द्विपक्षीय सहकार खोलायेन वाडोवपाची दोनूय देशांची वांटून घेतिल्ली वचनबद्धताय संयुक्त घोशणापत्रांतल्यान दिसून येता.

Asean 157

आसियान-भारत डिजिटल मंत्र्यांची सवी बसका काल व्हर्च्युअली ॲडॅप्टीव्ह आशियान: कनेक्टिव्हिटी ते कनॅक्टेड इंटेलिजन्स ह्या विशयाचेर जाली. डिजिटल समावेश आनी एकात्मतेचेर लक्ष केंद्रीत करून प्रादेशिक डिजिटल सहकार घटमूट करपा खातीर आशियाई वांगडी राज्य आनी भारत हांची वचनबद्धताय बसकेंत परतून पुष्टी केली. संचारण मंत्रालयान दिल्ल्या निवेदनांत दूरसंचार सचीव अमित अग्रवाल आनी व्हिएतनामाचे विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्री न्गुयेन मान्ह हंग हांणी सहअध्यक्षपणान हे बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळ्ळे . आशियाईन-भारत डिजिटल येवजण 2026 च्या मान्यतायेक बसकेंत समावेश केलो , हातूंत आयसीटी प्रशिक्षण वा क्षमता निर्माण कार्यावळी, भारत-आसियान नियंत्रक परिशद आनी दूरसंचार आयसीटी उपायांची उपयोजन अशे विशय आसपावीत आसात.

Iran 124

इराणांत प्रचलित परिस्थितीचेर भारत बारीक नदर दवरता अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान सांगलां. काल नवी दिल्लींत मिडिया ब्रिफींग वेळार मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी , फाटल्या दिसांनी इराणाची परिस्थिती मतींत घेतल्यार मंत्रालयान

भारतीयांक इराणाक भेट दिवची न्हय अशी सुचोवणी करपी थोडे सल्लागार जारी केल्यात आनी तशेंच अस्तंत आशियांतल्या देशांत हाजीर आशिल्ल्यांक परतून येवपाची सल्ला दिल्या. चाबहार बंदरा विशीं जयसवाल हांणी भारत, अमेरिकेचे वटेन ह्या विशयाचेर वेवस्था करपाक गुंतला अशेंय सांगला . जपानाच्या संरक्षण सहकार्या विशीं जयसवाल हांणी भारत-जपान सहकार्याचो हो एक म्हत्वाचो घटक आनी काल नवी दिल्लींत विदेश वेव्हार मंत्री dr s जयशंकर आनी तांचो जपानी समकक्ष तोशिमित्सु मोटेगी हांचे मदीं हे विशीं चर्चा जाली. भेट दिवपी मानेस्तांनी प्रधानमंत्री कडेन शिष्टाचार भेट दिली आनी उपरांत विदेश वेव्हार मंत्र्या वांगडा 18व्या भारत-जपान रणनिती संवादांत वांटो घेतलो.

Birla 149

लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हांणी लोकशाय संस्था पारदर्शक, समावेशक, प्रतिसाद दिवपी आनी लोकांक जापसालदार आसतात तेन्ना तीं घटमूट आनी प्रासंगीक उरत अशे सांगले . काल नवी दिल्लींत राष्ट्रकुल सीएसपीओसीच्या सभापती आनी अध्यक्ष अधिकारी परिशदेंत बिर्ला हाणी सांगलें. सगळ्या प्रतिनिधी मंडळांच्या सक्रीय सहभागाची, उमेदीची आनी रचनात्मक भावनाची खोलायेन तोखणाय केली, जाका लागून परिशद अर्थपूर्ण जाली. संसद चड लोककेंद्रीत जापसालदार आनी प्रभावी करपाचेर सामुहीक विचार करपा खातीर एक माची म्हूण सीएसपीओसीची प्रासंगिकताय दिसून येता अशें तांणीसांगले .

IMD 48

भारतीय हवामान खात्यान आयज उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंडात दाट धुकें पडपाचो अदमास उक्तायला . हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, बिहार, अस्तंत बंगाल, आसाम, सिक्किम, मेघालय हांगा दाट धुकें पडटलें असो अदमास खात्यान उक्तायला . छत्तीसगड आनी उदेंत मध्य प्रदेशात थंड ल्हारांचा परिस्थितीचो निर्माण जावपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां.

SPORTS 33

क्रिकेतांत दादल्यांच्या 19 वर्सां पिराये सकयल्या एका दिसाच्या विश्वकरंड सर्तींत आयज झिंबाब्वेच्या बुलावायो हांगा अ गटांतल्या दुसऱ्या मॅचींत भारत बांगलादेशा आड खेळटलो. भारतीय मानक वेळा प्रमाण दनपारां 1 वरांचेर ही मॅच सुरू जातली.